# नागरीकांनी मुद्रां येवजणेचो लाव घेवचो- श्रीपाद नाईक

ता. 9 ऑक्टोबर 2017
17 आश्विन 1939

केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी आयज आयनॉक्स प्रकल्पात राज्य पातळीवयल्या बॅकर्स समितीन आयोजित केल्ल्या मुद्रां प्रोत्साहन मोहिमेचे उक्तावण केले.

वित्त सचिव श्री. दौलत हवालदार, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्री. निला मोहनन, नाबार्डचे सरवेवस्थापक श्री. व्ही. आर. खुसरो, भारतीय रिजर्व्ह बँकेचे सरवेवस्थापक श्री. एस. टी. कन्नन आनी हेरांची ह्यावेळार उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. नाईक हांणी देशात रोजगार निर्मीतीखातीर भारत सरकारान अनेक येवजणो आनी कार्यक्रम सूरू केल्यात म्हणपाचे सांगून मुद्रां येवजण आनी स्टार्ट अप इंडिया ह्यो दोन येवजणो आसात, अशें तांणी सांगले.

गिरायक आनी विक्रेत्यांच्या सोयिखातीर सरकार डिजिटल वेव्हार पद्दतीक प्रोत्साहन दिता. भारत सरकाराच्या वित्त सेवा मंत्रालयान देशात मुद्रां प्रोत्साहन शिबीरा आयोजित करपाचो निर्णय घेतला. लोकांनी ह्या येवजणेचो चडात चड फायदो घेवचो, जेणे करून आपल्या जीणेत उत्पन्नाचे साधन निर्माण जातले, अशेंय तांणी सांगले.

स्टेट बँक ऑफ इंडियाच्या मुंबय विभागाचे मुख्य सरवेवस्थापक श्री. दिपंकर बोस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती हेजल फालेरो हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सरवेवस्थापक श्रीमती सलोनी नारायण हांणी निमणे उपकार मानले.